राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो

३०.०३.२०२६ @ 7.20 pm

पणजी म्हपालीकेत रोहित मोनसेरात नगराध्यक्ष आनी वसंत अग्शिकार उपनगराध्यक्ष म्हणून  बिन विरोध वेंचून आयल्यात.

1 एप्रील सावन जनगणना 2027 चो पयलो टप्पो सुरू करपी देशांतल्या पयल्या राज्यां मदीं गोंय आसतलें

सावर्डे मतदारसंघालो  प्रस्तावित मिराबाग  बंधारो प्रकल्प जावचो ना अशे  आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी थळाव्या मिराबाग प्रकल्पाक विरोध करपी नागरीकांक दीले

पणजी जिम खाना मेम्बर्स लीग किंग्स पगडान सलग चवथे फावट रमाकांत वेर्णेकर करंडक क्रिकेट सरत जिकून मडगाव क्रिकेट क्लब लीग सुपर स्टार्स पगडाक हारायले.

रश्मी 70

पणजी म्हापालिकाच्या नगरसेवकांनी रोहित मोनसेराताक नगराध्यक्ष आनी वसंत अग्शिकाराक उपनगराध्यक्ष म्हणून बिन विरोध वेंचून काडल्यात. सीसीपींतल्या सगल्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या नगरसेवकांनी ह्या वेंचणुके उपरांत आयज सोपूत घेवपाची प्रक्रीया जाली. पणजेच्या उदरगतीखातीर ह्यानफुडेय आपुण काम करतलो अशे ह्यावेळार रोहीत मोन्सेरात हांणी म्हणला.रोहीत मोन्सेरात हांची सेगीत सव्व्या फावट म्हापालीकेचे मेयर म्हण निवड जाला. जाल्यार ह्यानफुडे आपुण विधानसभा वेंचणुक लढोवपाक इत्सुक आसा अशे रोहीत हाणी जाहीर केल्ले.पणजी म्हापालिकेखातीर 11 मार्चाक वेंचणुक जाल्ली,जाल्यार 13 मार्चाक मतमेजणी जाल्ली.
Byte : Rohit Monserrat

महेश 130

1 एप्रील सावन जनगणना 2027 चो पयलो टप्पो सुरू करपी देशांतल्या पयल्या राज्यां मदीं गोंय आसतलें; ह्या टप्प्या खाला 15 एप्रील मेरेन ‘स्व गणना’ची सुविधा मेळटली.ते उपरांत 16 एप्रील ते 15 मे मेरेन घरांची वळेरी तयार करपाचें आनी घरांची जनगणना करपाचें काम सुरू जातलें.नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना भारताचे महानिबंधक आनी जनगणना आयुक्त मृत्युंजय कुमार नारायण हांणी सांगलें की ही भारताची पयली पुरायपणान डिजिटल जनगणना आसतली. घरोघर सर्वेक्षण सुरु करचे पयलीं लेगीत गोंयच्या रहिवाशांनी सुरक्षीत पोर्टला वरवीं 16 भाशांतल्या खंयच्याय भाशांनी आपली म्हायती ऑनलायन सादर करु येता. तशेंच मोबायल ॲप्लिकेशनांचो वापर करून जनगणनेचे काम करपी कर्मचारी म्हायती एकठांय करतले.जनगणनेच्या कामा खातीर देशभरांत 30 लाखां वयर अधिकारी आनी कर्मचारी नियुक्त करतले. अधिकाऱ्यांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण ‘जनगणना कायदो, 1948’ खाला चालीक लायिल्ल्या हे प्रक्रियेच्या माहितीच्या सुरक्षे खातीर खूब घटमूट उपाय येवजण केल्या.

गणेश 80

बर्च बाय रोमियो लेन क्लबांत सोरो विक्री अबकारी खात्याचो उत्पादन शुल्क परवानो मेळोवपा खातीर भलायकी केंद्राचो बनावट भलायकी दाखलो तयार केल्ल्या प्रकरणांत म्हापशें पुलिसांनी क्लबाचे धनी गौरव लुथरा आनी सौरभ लुथरा हांकां अटक केली. फाटल्या शुक्रारा म्हापशें अतिरिक्त जिल्लो आनी सत्र न्यायालयान दोगूय दुबावितांचो अटकपूर्व जामीन अर्ज भायर मारिल्लो. हाका लागून तांचे अटकेचो मार्ग मेकळो जाल्लो. सोमारा ३० मार्चाक म्हापशें पुलिसांनी दुबावीत लुथरा भावांक अटक करपाची परवानगी न्यायालयान दिली. दनपरां तांकां पुलिसांनी कोलवाळ बंदखणींतल्यान ताब्यांत घाले आनी अटक केली.कांदोळी मुळाव्या भलायकी केंद्र अधिकाऱ्यान म्हापशें पुलिशेंत बनावट एनओसी विशीं कागाळ दाखल केल्ली.

रश्मी/गणेश 110

सावर्डे मतदारसंघालो प्रस्तावित मिराबाग बंधारो प्रकल्प जावचो ना अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी थळाव्या मिराबाग प्रकल्पाक विरोध करपी नागरीकांक दीले.ह्या आस्वासनाउपरांत 49 दीस चलील्ले आंदोलन आयज आंदोलककारांनी फाटी घेतला. आयज दनपारां ह्या प्रकल्पाक विरोध करपी आंदोलनकारांनी मुखेलमंत्र्याची भेट घेतली. ह्या प्रकल्पाच्या फायलीक टिप्पणी घालून बंद करतलों अशें आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान संबंधितांक दीले. Byte मिराबाग बंधारो प्रकल्प पुरायपणान रद्द करप, उदकास्तोत्र खात्यान खणून काडिल्ले दोन उदकान भरिल्ले खड्डे मूळ स्थितींत हाडप, ₹4.5 कोटी हॉटमिक्सिंग रस्त्याचें काम पुराय करप, अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत विधानसभा भितर निशेध केल्ल्यान अटक केल्ल्या चार निदर्शकां आड केशी फाटीं घेवप अशीं सगळ्यो मुखेल मागणी मुखेलमंत्र्या मान्य केल्यात अशी म्हायती मिराबाग प्रकल्पाक विरोध करपी आंदोलण कारांनी दील्या .

महेश 60

सांगे हांगाच्या नूतनीकरण केल्या प्राथमीक भलायकी केंद्र आनी नव्या डायलिसीस विभागाचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केलें.भलायकी, बायलो आनी भुरगीं उदरगत आनी शार आनी ग्राम नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे, समाज कल्याण, पेयजल, दिव्यांग सक्षमीकरण आनी न्हंय येरादारी मंत्री सुभाष फळदेसाय,रीव्नाची जिल्लो परिषद वांगडी,राजश्री राजेश गावकर, सांगे नगर परिषदेची अध्यक्ष सांतिक्षा गडकर, GSIDC Ltd. चे व्यवस्थापकीय संचालक रोहित कदम, GSIDC चे संचालक दत्ताराम चिमुलकर आनी हेर मानेस्त हे वेलार हाजीर आशिल्ले.

Dip 90

सरकारान गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगाची पुर्नस्थापना केल्या. शशिकांत पुनाजी हे आयोगाचे अध्यक्ष जाल्यार स्नेहल साळगांवकर, संजीवनी देसाय, शलाका देसाय, एस्टर रॉय तोरिस, सोफिया डिसौझा हे आयोगाचे वांगडी आसात. राज्यांत बाल हक्क संरक्षण, भुरग्यांक सुरक्षीत वातावरण आनी बाल कल्याणा खातीर आयोग कार्यरत आसून बाल हक्क संरक्षण आनी बाल हक्क कायद्याविशी समाजात जागृताय करपाचे आनी बाल हक्क कायद्याचे उल्लघनाच्या कागाळींची चवकशी आनी कारवाय करपाचो वावर आयोग करता. बाल हक्क संरक्षण कायद्याच्या उल्लघनाविशी कसलीय कागाळ आसल्यार लोकांनी गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोग, डी-7-ए, तळमजलो, सरकारी क्वॉटर्स, उजो पालोवपी दळा सामकार, सांतिनेझ पणजी ह्या नाम्याचेर संपर्क करचो.

SITHARAMAN 70

ग्राहकांच्या माहितीची सुरक्षितता आणि गोपनीयता सुनिश्चित करपाक देशातल्यो बँको एका कडक कायदेशीर आणि नियामक चौकटीअंतर्गत काम करतात अशे आज लोकसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरावेळार पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी म्हणले. भारतीय रिझर्व्ह बँकेन जारी केल्या 'नो your कस्टमर' (केवायसी) प्रणाली आणि मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण, बँकांक ग्राहकांच्या माहितीची गोपनीयता राखप बंधन/कारक आसा अशे ताणी म्हळे Byte

IBC न डिसेंबर 2025 म्हणसर कंपनीक दिल्या तेक्या विशी उलयताना ताणी सांगले Byte

NAIDU 90

नागरी हवाई येरादारी मंत्री के. राममोहन नायडू यांनी माहिती दिली की, भारताकडे एव्हिएशन टर्बाइन फ्युएल (atf) चो फाव तितलो साठो आसा. आज राज्यसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरां वेळार पुरवणी प्रश्नांक जाप दिताना नायडू हांणी म्हणले की, देशाकडे मुखावेल्या ६० दिसां खातीर कसलीच आडमेळी नासताना पुरवण आसा. आनीक एका पुरव/णी प्रश्ननाक जाप दिताना ताणी म्हणले की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या दूरदृष्टीन

फाटल्या १२ वर्षांत भारताच्या हवाई येरादारी क्षेत्रात उल्लेखनीय विकास जाला. विमानतळ, विमानां वा प्रवासी आसु, सगळे दुप्पट जाला आणि हवाई येरादारी क्षेत्रात अधिक मनीसबळची आवश्यकता आसा. मनीसबळ वाडोवपाक सरकार कुशळताय विकास आणि अभ्यासक्रमांक तेको दिता अशे सांगले

महेश 150

राज्यभर तापमान वाडत आशिल्ल्यान दक्षिण गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणान भौशीक सुरक्षेचो म्हत्वाचो सल्लो जारी केला. सगल्या नागरिकांनी सध्याच्या उश्णताय ल्हारां पासून स्वताची राखण करपा खातीर बेगोबेग जतनाय घेवची अशें आवाहन आसा , जाका लागून उश्णताय आनी थकपाचो त्रास जावचो ना.तान नासली तरी भरपूर उदक पियेवन कुडींतली उदकाची पातळी टिकोवपाचो दिला. ओआरएस, नाल्लाचें उदक, लस्सी सारकिले पारंपारीक पेयां घेवपाची शिफारस केल्या, जाल्यार सोरो, च्या आनी कॉफी टाळची, कारण ताका लागून कुडीच्या उदकाची पातळी कमी जाता. भायर सरतना हलक्या रंगाचे सुती कपडे घालचे, सत्री, तोपी आनी गोगळ वापरून स्वताची राखण करची. श्रमीक कामां थंड वेळार करची आनी भायर काम करपी कामगारांक मदी मदी विसव दिवचो असो खासा सल्लो नियोक्त्यांक दिला.सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणल्यार भुरग्यांक वा पाळीव जनावरांक केन्नाच पार्क केल्या वाहनांत सोडचे न्हय, कारण तापमान काय मिनटां भितर जिवाक धोको निर्माण करपी पातळे मेरेन पावूं येता. तुमकां वा तुमच्या भोंवतणच्या कोणाकूय घुंवळ आयल्यार वा अस्वस्थताय दिसल्यार उपकार करून रोखडेंच दोतोरा कडेन वचचें. सादूर रावचें, हायड्रेटेड रावचें आनी सुरक्षीत रावचें.

डेस्क 50

पणजी जिम खाना मेम्बर्स लीग किंग्स पगडान सलग चवथे फावट रमाकांत वेर्णेकर करंडक क्रिकेट सरत जिकून मडगाव क्रिकेट क्लब लीग सुपर स्टार्स पगडाक हाराय्ले.

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३४.2 अंश celcius आसतले जलयार किमान तापमान 2४.2अंश celcius आसतले